गोंय सरकार
म्हायती आनी प्रसिध्दी खातें
पणजी गोंय

सरकारी पत्रकअनिवासी भारतीय युवकांनी राज्यपालाची भेट घेतली

ता. 12 सप्टेंबर 2019

प्रत्येकान आपली संस्कृती सांबाळून दवरपा वांगडाच दुसऱ्यांची संस्कृती समजून घेवपाची गरज आसा, अशें राज्यपाल श्रीमती मृदुला सिन्हा हांणी आयज राजभवनार "भारत जाणून घेयात" कार्यक्रमाखाला भारताच्या भेटेर आयिल्ल्या अनिवासी भारतीय युवकांकडेन संवाद साधताना सांगलें.

केंद्रीय विदेश वेव्हार मंत्रालयान गोंय सरकाराच्या गृह खात्याच्या सहकार्यान ह्या कार्यक्रमाचे आयोजन केला. भारतीय सांस्कृतीक वारसो आनी विकासा विशीं अनिवासी भारतीय युवकांमदी जाणीव करपा खातीर अशा कार्यक्रमाचे आयोजन करपात येता.

संस्कृतायेमदीं सर्त आसना. प्रत्येकान आपल्या वाठाराच्या संस्कृतीचो आदर करपाक जाय. अनिवासी भारतीय युवकांनी समृध्द भारतीय सांस्कृतीक वारशाचे खाशेलपण जाणून घेवचे, अशेंय राज्यपालान सांगलें.

ह्या कार्यक्रमाखाला वेगवेगळ्यां मळार शिक्षण घेवपी आनी वावूरपी 40 अनिवासी भारतीय युवक भारत भेटेर आयल्यात. ह्या वेळार युवकांवांगडा श्री. विनीत कुमार (IFS) , संपर्क अधिकारी श्री. निलेश कामत, स्टिफन सुवारीस, शैलेश पै आनी ज्ञानदीप वळवईकर हजर आशिल्ले.

म्हा /सप/ एमएस/ जॉआ/ विगां/ 2019/571

--
DIRECTORATE OF INFORMATION AND PUBLICITY.
THIRD FLOOR,UDYOG BHAVAN,
NEAR AZAD MAIDAN, PANAJI GOA